**हॉस्पिटॅलिटी प्रदर्शनात वाटो घेवपाक  एमएसएमई वेवसायिकांकडल्यान ऑनलायन अर्ज मागयल्यात**

ता. 5  ऑगस्ट 2025

सूक्ष्म, ल्हान आनी मध्यम उद्देंग विकास आनी सुविधा कार्यालय (मडगांव), भारत सरकार हांच्या वतीन गोंय राज्यांत पीएम येवजणांची अंमलबजावणी करपात येता. ह्या येवजणे प्रमाण 20 ते 22 ऑगस्ट 2025 मेरेन डॉ. श्यामा प्रसाद मुखर्जी स्टेडिएम, बांबोळी हांगा आयोजीत गोवा हॉस्पिटॅलिटी प्रदर्शनात सहभागी जावपाक  आदार दितले. ह्या प्रदर्शन कार्यक्रमात  वाटो घेवपा खातीर गोंय राज्यांतल्या सूक्ष्म, ल्हान आनी मध्यम उद्देंगांक प्रोत्साहन दितले.

ह्या प्रदर्शन कार्यक्रमात  सहभागी जावपा खातीर  एमएसएमई कडल्यान ता. 10 ऑगस्ट 2025 मेरेन ऑनलायन अर्ज मागयल्यात. कमर्सिएल किचन इक्विपमेंट, हॉटेल फर्निशींग्स, रेस्टोरंट, बेकरी, फुड एण्ड ब्रेव्हरेजीस उत्पादक आनी सेवा  दिवपी वेवसायिकांनी ह्या प्रदर्शनात सहभागी जावपा खातीर आपल्या उद्यम नोंदणी क्रमाका वरवीं ऑनलायन अर्ज करचे.

म्हा /सप/    / विगां/ 2025/589

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.